18TH April 2026 7.25am

नारी शक्ती वन्दन -

नारी शक्ती वन्दन अधिनियमन विधेयकाक विरोधी पक्षांनी तेको दिवचो, अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. हे विंशी विरोधी पक्षातल्या फुडाऱ्यांक पत्र बरोवन सुध्दा, संबंधित मागणी केल्या. बायलांक राजकी आरक्षण दिवपी हे विधेयक आसुन, हांतुन विकसित भारताच्या जडण घडणीत, बायलांक निर्णय प्रक्रियेत वाटो घेवपाक संद मेळटली, अशे मत मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार उक्तायले.

G- food fest -

गोंयची खाणा जेवणा ही पुश्टीक आनी भलायकि घटमुट दवरपी आसात. ताका लागुन भलायेकची इबाड करपी जिन्नस सोडुन, पारंपरीक गोंयचे जिन्नस खावप महत्वाचे. डायबेटीस तशेंच डायलेसिसाच्य दुयेसांचे प्रमाण पुश्टीक खाण्याच्या उणावा खातीर वाडला,अशे मुखेमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले. मुखेलमंत्र्यांच्या हस्तुकी काल G-food festचे लोकभवनाच्या सबाघरात उक्तावण जाले. गोंयची पारंपारीक खाणा जेवणा, जिन्नस, हस्तकलेक मार्केट दीवपाच्या हेतान, goa state rural livelihood mission हो उपक्रम घडोवन हाडला.

गोंयकारांनी पारंपरीक वेवसाय तिगोवन दवरप महत्वाचेआसा. नुस्तेमारी आसु ना जाल्यार शेती, गोंयकारांनी ती तिगोवन दवरची, अशेय मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

ह्यावेळार राना म्हामंडळाची अध्यक्षा दोतोर देविया राणे, गोंय ग्रामीण उदरगत यंत्रणेची दक्षीण गोंयची संचालक दिपाली नायक तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

मंत्रिमंडळ बसका -

पालिका वेचणुके सयत सगल्यो थळाव्यो वेचणुको घेवपाचे अधिकार, राज्य वेंचणूक आयोगाक दिवपी अध्यादेशाक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. हाका लागून आता पुराय नगरपालिका वेंचणुको, लांबणेर पडपाची शक्यताय आसा. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत, मुखेलमंत्री

डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. थळाव्या संस्थांचे सगळे अधिकार आयोगाकडेन दिवपाची पयलीं सावन मागणी आशिल्ली. ही  मागणी मान्य जाल्या. हाका लागून नगरपालिका वेंचणूको, मे म्हयन्यात जावप आता शक्य ना.

(

इतले मजगती आरक्षण आनी वॉर्ड मर्यादा करपा खातीर आयोगाक वेळ लागतलो. ताका लागून वेंचणूक फुडें धुकलपाची शक्यताय आसा, अशे मत ॲडव्होकेट जनरल देवीदास पांगम हांणी उक्तायला.

Rohan khaunte –

शॅकाखातीर एका श्रेणीचो परवानो घेंवन, भलतेच क्षमतेचो वेवसाय करपी वेवसायिकांचेर खर कारवाय जातली, अशी शिटकावणी पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या. काय शॅक, हॉटेल वेवसायिक कमी दर्जाच्या श्रेणीचे परवानगे घेंवन, दुसरोच वेवसाय करता, अशे पर्यटन खात्याक कळ्ळुन आयला. ह्या बेकायदेशीर व्यवसायाचेर कारवाय करपाक, पर्यटन खात्यान खासा समिती नेमल्या. ह्या समितीचो अहवाल काय दिसांनी येतलो. गोंयचे वेवसायिक नेम पाळटात, मात गोंयाभायले वेवसायिक हे नेम पाळीनात अशे दिसता. हाचेखातीर ह्यानफुडे अशा वेवसायिकांचेर खर कारवाय जातली, अशी शिटकावणी मंत्री खंवटे हांणी दिल्या.

मंत्री सुभाष फळदेसाय -

समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी व्हॉट्सअॅप आनी कॉल वरवीं झटपट म्हायती दिवपी “दिव्यसाथी” चॅटबॉट सुरू केल्ल्याची घोशणा आयज केली. ह्या यंत्रणेवरवी अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक कल्याणकारी येवजण्यांवीशी म्हायती मेळटली,तशेंच ताचो लाव घेवपाक मेळटलो. तशेंच अशा व्यक्तीच्या कागाळींचेर निवारण करपाक मेळचें म्हणून, “न्याय पोर्टल” सुरू केल्याचेय, मंत्री फळदेसाय हांणी जाहीर केला. ह्या यंत्रणेवरवी दीव्यांग तशेंच अपंगत्व आशील्ल्या मनशांक वेगवेगळ्या येवजण्याच्या पात्रतायेवीशी म्हायती मेळटली, तशेंच फॉर्म डाउनलोड करपाक मेळटले आनी कार्यालयांक भेट, दि नासतना ऑनलायन अर्ज करपाक मेळटले.

Announcement DD - 40

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करूक शकतात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर आनी वेबसाइट सहाय्यक पदाखातीर पात्र उमेदवारांनी आपलो बायो-डेटा, रंगीत फोटो आनी आणि साक्षांकित कागदपत्रा, उपसंचालक (वृत्त), दूरदर्शन केंद्र, आल्टिन्हो, पणजी हांगा दिवची, अशे कळीत केला.

Sports –

आयपीएल क्रिकेटांत, काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमार कर्णधार शुबमन गिलाच्या भव्य अर्दशतकाक लागून गुजरात टायटन्सान, कोलकाता नाइट रायडर्सचेर, पांच विकेटींनी जैत मेळयलें.

वेदर - 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.2 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 25.3 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार